*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**शेल्डे उपकेंद्रावयल्यान वीज पुरवण खंडीत करपाची तारीख मुखार धुकल्ली**

ता. 06 मे 2020

वीज खात्यान पावसा पयलीच्या दुरूस्ती कामाखातीर दक्षीण गोंयातल्या शेल्डे उपकेंद्रावयल्यान ता. 9 मे 2020 दिसा वीज पुरवण खंडीत करपाचो थारायिल्लो कार्यक्रम गर्मीच्या उबाळाक लागून मुखार धुकल्ला आनी आता हो वीज पुरवण खंडीत कपाचो कार्यक्रम ता. 16 मे 2020 दिसा थारायला. ते खातीर ता. 16 मे दिसा सकाळीं 7.00 ते दनपारां 3.00 वरां मेरेन सबंद साश्ट वाठार, कुकंळ्ळी, बाळ्ळी, बाणावली, वेळ्ळी, कारमोणा, नेसाय, काणकोण, पैगीण, रिवण, सांगे, शेळपे, केपे, असोल्डा, शेल्डे, सावर्डे, शिगांव, कुडचडे, वेर्णा उद्देगीक वसणूक आनी शेळपेच्या उदका प्रकल्प वाठारांत वीज पुरवण जावची ना.

वीज गिरायकांनी ह्या बदलाची नोंद घेवची, अशें वीज खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/226

-

_DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA